**Panaji National 4th June 2025 8.40 am**

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी काल नव्यान नियुक्त जाल्ल्या राज्य प्रशासकीय अधिकाऱ्यांक सरकारी येवजण्यो निमण्या पांवड्यामेरेन पावोवपाखातीर कृत्रिम बुद्धिमत्ता, ई-गव्हर्नन्स आणि डिजिटल अभिप्राय यंत्रणेतल्यो नवकल्पना स्वीकारपाविशी आव्हान केलें. राष्ट्रपती मुर्मू नवी दिल्लीतल्या एलबीएसएनएए (LBSNA) हांगा १२७ व्या इंडक्शन प्रशिक्षण कार्यावळीत वाटो घेवपी राज्य नागरी सेवा अधिकाऱ्यांक संबोधित करताल्यो. सेवा वितरणात सुधारणा करपापासून ते डेटा-चालित निर्णय घेवपाक सक्षम करपामेरेन, डिजिटल साधना कार्यक्षम, पारदर्शक आणि नागरिक-अनुकूल प्रशासन प्रणाली तयार करपाक मदत करपाक शकता अशें मुर्मू हांणी म्हळें.

तळागाळातल्या लोकांचे कल्याण आणि विकास करपाक ह्या अधिकाऱ्यांची म्हत्त्वाची भूमिका आसता अशें मुर्मू हांणी अधिकाऱ्यांच्या योगदानाची तोखणाय करता आसतना सांगलें. विकसित राष्ट्रात रूपांतरित जावपाच्या देशाच्या प्रवासात उपेक्षित आणि दुर्बल घटक फाटीं उरचेना हाची खात्री करपाखातीर यत्न करपाक जाय हाचेर तांणी भर दिलो.

गरीब आणि वंचित लोक जेन्ना विकास आणि समृद्धीचो अणभव घेतले, तेन्नाच देश विकसित राष्ट्राचे ध्येय साध्य करपाक शकतलो अशें राष्ट्रपतीनी म्हळें.

आसामांत काल पाचव्या दिसाय हुंवाराची परिस्थिती आसा. २१ जिल्ह्यातले पाच लाखांपरस चड लोक पुराक लागून अडचणीत सापडल्या.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज राज्यातल्या पूर परिस्थितीचो आढावो घेतलो. प्रधानमंत्र्यांनी आसामाचे मुखेलमंत्री हिमंत बिस्वा सर्मा हांकां पिडेस्तांक मदत

आणि तांचे पुनर्वसन करपाक केंद्र सरकाराकडल्यान पूराय सहकार्य मेळटलें अशें आश्वासन दिले.

प्रधानमंत्र्यांनी मणिपूरचे राज्यपाल अजय कुमार भल्ला हांचेसयत उलोवणी करुन राज्यातल्या पूर परिस्थितीचो आढावो घेतलो. मणिपूरातल्या पूर परिस्थितीक तोंड दिवपाखातीर केंद्राकडल्यान सगळी मदत मेळटली अशेंय तांणी सांगलें.

मजगती, आसामचे मुखेलमंत्री हिमंत बिस्वा सर्मा हांणी पूर परिस्थितीचो आढावो घेवपाखातीर कछार जिल्ह्यातल्या सिलचराक भेट दिली. तांणी मदत छावण्यांकूय भेट दिली आणि लोकांकडे संवाद साधलो. मुखेलमंत्र्यांनी जिल्हो आयुक्तांक तांच्या जिल्ह्यातल्या बचाव आणि मदत कार्यांचेर लक्ष दवरपाचे निर्देश दिले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या म्हयन्याच्या ६ तारखेक जम्मू आणि काश्मीरतल्या चिनाब पुलाचे उक्तावण करतले अशें केंद्रीय मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह हांणी कळीत केलां. संवसारातलो सगळ्यात उंच, जम्मू आणि काश्मीरतलो नवो चिनाब पूल, भारताच्या सामर्थ्याचे आणि दिष्टिकोनाचे प्रतीक म्हणून उबो आसा अशें केंद्रीय मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह हांणी सोशल मीडियार केल्ल्या एका पोस्टांत म्हळां. हो पूल उधमपूर-श्रीनगर-बारामुल्ला रेल्वे लिंक प्रकल्पाचो एक वाटो. कठीणातल्या कठीण काळांत सैमीक आव्हानांक तोंड दिवपाक शकचो म्हूण हो पुल डिझाइन केल्लो आसा अशेंय तांणी मुखार म्हळें.

भारत दहशतवाद आणि आण्विक ब्लॅकमेलच्या सावळेन रावचोना अशें प्रतिपादन संरक्षण दलाचे मुखेली जनरल अनिल चौहान हांणी केलां. पाकिस्तानाक राज्य पुरस्कृत दहशतवाद थांबवचो पडटलो. इस्लामाबादाचे प्रॉक्सी वॉर आता खपोवन घेवचे ना अशेंय तांणी म्हळें. जनरल चौहान हे सावित्रीबाई फुले पुणे विद्यापीठात 'फुडारातलीं युद्धा' ह्या विषयावर व्याख्यान दिताले. पेहलगाम दहशतवादी हल्ल्याक

दिल्लो प्रतिसाद म्हुण सुरू केल्ल्या ऑपरेशन सिंदूरान सीमेपलतडी आनी पाकव्याप्त जम्मू आनी काश्मीरातल्या दहशतवादी तळांक लक्ष्य केलां. २०१६'त केल्लो उरी सर्जिकल स्ट्राईक आनी २०१९'तल्या बालाकोट हवाई हल्लो भारतान केल्ल्या कारवाईची साक्ष दिता.

एनसीआरातल्या (NCR) सॅनिटरी लँडफिल आणि डंप जाग्यांचेर बायोमास जळयल्ल्यान उजो पेटपाच्या घटनांक लागून जावपी वायू प्रदूषण नियंत्रित करपाखातीर एअर क्वालिटी मॅनेजमेंट कमिशनान निर्देश काडला. सीएक्यूएमनान एनसीआरातल्या नागरी स्थानिक संस्थाक आनी हेर संबंधित एजन्सींक ह्या प्रदेशातल्या सगळ्या सॅनिटरी लँडफिल आणि डंप जाग्यांचेर लागपी उज्याची कारणा जाणून घेवपाक, कोयराचें वर्गीकरण करपाक, सीमांकन आनी मूल्यांकन करपाक सांगलां. सॅनिटरी लँडफिल आणि डंप जाग्यांवेल्या कोयराचें व्यवस्थापन आनी उज्याच्यो दुर्घटना थांबोवपाखातीर, आयोगान एजन्सींक सीसीटीव्ही कॅमेरे आणि वंय बांदपाचो आदेश दिला. भिरांकुळ उत्सर्जन आनी उजो लागपाच्या घटनांक आळाबंद हाडपाखातीर त्रैमासिक ऑडिट आनी नेमान मॉक ड्रिल करपाचेर भर दितले अशेंय आयोगान म्हळां. कोयर उघड्याचेर जळोवपाचे टाळपाखातीर आनी ह्या सारकील्ल्या दुर्घटनांचेर नियंत्रण हाडपाखातीर महानगरपालिका पथकान गस्त घालची असोय निर्देश आयोगान दिला.

महानगरपालिका, घनकचऱ्याचेर प्रक्रिया करपी आणि घनकचरो हाताळपी स्वच्छता कर्मचाऱ्यांचे कौशल्य आणि ज्ञान वाडोवपाक आयोगान स्वच्छता कर्मचाऱ्यांखातीर नियमित क्षमता-निर्मिती कार्यावळ आखपाक लायल्या. हरियाणा आणि पंजाब सरकारांक उघड्यार भाताचे पेंढे जळोवपाची पद्धतूय बंद करपाचे निर्देश दिल्या.

15 जून सावन कोंकण रेल्वे मार्गाचेर पावसाळी वेळापत्रक सुरू जातले, ह्या काळांत गाडयांची गती सदचे परस उणी दवरतले. हाचे भायर पुराय रेल्वे मार्गाचेर 24 वरां कर्मचाऱ्यांची गस्त आसतली आनी हे खातीर 636 प्रशिक्षीत कर्मचारी तैनात करतले.

पावसाच्या दिसांनी कोंकण रेल्वे मार्गाचेर चड करून पालसणा कोसळपाच्यो घडणूको घडतात ते खातीर कोकण रेल्वे म्हामंडळान गरजेचे सुरक्षेचे उपाय केल्यात अशी म्हायती कोंकण रेल्वे जनसंपर्क अधिकारी बाबन घाटगे हांणी दिली. जंय उदक व्हांवपाची गटारा आसात थंय तीं निवळ करून जंय पालसणा कोसळूक शकतात थंय गरजेचे उपाय केल्यात. व्हडलो पावस पडलो आनी फुडें कांयच दिसना जाल्यार गाडयेची गती वराक 40 किलोमीटर मेरेन उणी करपाची सुचोवणी चालकांक दिल्या आनी उदकाची पातळी वाडली जाल्यार ती उणी जाय मेरेन गाडयो बंद करतले अशी म्हायती तांणी दिली.

पालसणा कोसळली जाल्यार ते काडपा खातीर कणकवली आनी वेर्ना हांगा एस्केलेटर आशिल्ले डबे तयार दवरल्यात, आनी रेल्वे दुरुस्ती खातीर रत्नागिरी, राजापूर, कुडाळ, वेर्ना, कारवार, भटकल आनी उडुपी हांगा आरएमव्ही डबे दवरल्यात तशेच आपत्कालीन मजत दिवपा खातीर मडगांव, चिपलुन, रत्नागिरी, कणकवली, करमळी आनी कारवार हांगा यंत्रणा दवरल्या. आपत्ती आयल्यार बेगीन वैजकी मजत मेळची हे खातीर रत्नागिरी आनी वेर्ना हांगा ऑपरेशन थिएटरांनी सज्ज वैजकी व्हॅन आसतली, आनी दर एका किलोमीटर अंतराचेर संपर्क सुविधा उपलब्ध आसतल्यो अशी म्हायती घाटगे हांणी दिली.

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती अहमदाबादेत जाल्ल्या निमण्या खेळात रॉयल चेलेंजर्स बेंगलोर पंगडान पंजाब किंग्स पंगडाक ६ धावंड्यांनी हारोवन पयलेच फावट ह्या सर्तीतले वस्तादपण जोडले.

पयली फलंदाजी करताना रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू पंगडान निर्धारित २० षटकांत ९ बाद १९० धावंड्यो केल्ल्यो. विराट कोहलीन सगळ्यात चड ४३ धावंड्यो केल्यो, तर कर्णधार पटीदारान २६ धावंड्यांचे योगदान दिले. पंजाब किंग्जच्या अर्शदीप सिंग आनी काइल जेमिसना ३-३ गडे बाद केले. उपरांत पंजाब किंग्ज पंगडान निर्धारित २० षटकांत फकत १८४ धावंड्योच करप शक्य जाले, तातूंत शशांक सिंगचे नाबाद ६१ धावंड्यांचे योगदान आशिल्ले. गुजरात टायटन्सच्या साई सुदर्शनाक सगळ्यात चड धावंड्यो केल्याखातीर ऑरेंज कॅपचो पुरस्कार मिळ्ळो, तर प्रसिद्ध कृष्णा पर्पल कॅप पुरस्कार फाव जालो. मुंबई इंडियन्सच्या सूर्यकुमार यादवला पूराय सर्तीत उत्कृष्ट फलंदाजीखातीर मोस्ट व्हॅल्यूएबल प्लेअर पुरस्कारान सन्मानित केले.